# राष्ट्रीय खबरो 16.10.2026 @ 8.40 AM योगीश जोशी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी योगीश जोशी तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं  व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगां वरवीं लडाखांतल्या सुमार ३ हजार ३५० कोटी रूपया खर्चाचे पांच मुखेल उदरगतीचे प्रकल्प देशाक समर्पित केले.

दीर्घकालीन भांडवली नफो कर काढून उडोवपा विशीच्यो सुचोवण्यो आयकुन घेवपाक सरकार तयार आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित 'ब्लूमबर्ग न्यू इकॉनॉमी फोरमात उलयताना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हळा.

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्लींत नॅशनल स्ट्रॅटेजिक ट्रेड कमांड सेंटर' म्हळयार (NSTCC) चे  उक्तावण केलें.

दरवाडी संबंदीत आडमेळीं आसून लेगीत अंदूं एप्रिल-सप्टेंबर ह्या काळांत अमेरिकेंत जावपी  भारताची वेपारी वस्तू निर्यात सुमार 51 अब्ज डॉलर मेरेन पावल्या अशें सरकारान सांगलां.

आता पुराय खबरो

पीएम 140

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं  व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगां वरवीं लडाखांतल्या सुमार ३ हजार ३५० कोटी रूपया खर्चाचे पांच मुखेल उदरगतीचे प्रकल्प देशाक समर्पित केले. हे पाच प्रकल्प ह्या प्रदेशातलीं संपर्क वेवस्था अधिक घटमूट करतले तशेंच हाका लागून ऊर्जेच्या मुळाव्या सुविधां मदीं लेगीत सुधारणा जातली आनी सांस्कृतिक दायजाचें जतन करतले तशेच जल संरक्षण वाडोवपाक ताची मदत जातली.  प्रधानमंत्री मोदी हांणी ह्या वेळार उलयतनां सांगलें की. *(पीएम बायट )* लेहांतल्या कुशोक बकुला रिंपोची विमानतळार संयशें चाळीस कोटी रूपया खर्चान बांदिल्ल्या नव्या प्रवासी टर्मिनलाचें उक्तावण प्रधानमंत्री मोदी हांणी केलें. ह्या आधुनीक टर्मिनलाचेर वर्सुकी 35 लाख प्रवाशांची क्षमता आसा. तशेंच बॉर्डर रोड्स ऑर्गनायझेशन हे संस्थेन बांदिल्लो दोनशें अठ्ठ्याण्णव किलो

मीटर लांबायेचो निम्मू-पदुम-दारच्या रस्तो प्रधानमंत्र्यानीं लोकार्पित केलो. लेहांतल्या निम्मूक पयसुल्ल्या जांस्कर देगणांतल्यान हिमाचल प्रदेशांतल्या दरचाकडेन जोडपी हो रस्तो लद्दाखाक पर्यायी जोडणी दिता. ह्या जोडणेक लागून श्रीनगर-लेह आनी मनाली-लेह मार्गांचेर प्रवास करपाक आनीक सोंपें जातलें. ह्या वेळार प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें की

निर्मला 150

येणाऱ्या केंद्रीय अर्थसंकल्पाच्या पूर्वतयारी खातीर जावपी सल्लामसलती वेळार दीर्घकालीन भांडवली नफो कर काढून उडोवपा विशीच्यो सुचोवण्यो आयकुन घेवपाक सरकार तयार आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित 'ब्लूमबर्ग न्यू इकॉनॉमी फोरमात उलयताना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हळा. अर्थमंत्र्यांनी नमूद केले की, भारत आणि परदेशातले गुंतवणूकदार भांडवली नफ्यावेलो कर आणि 'सिक्युरिटीज ट्रान्झॅक्शन टॅक्स'सयत वेगवेगळ्यो मालमत्ता वेल्या करांबाबत चर्चा करतात. सरकार आपली वित्तीय शिस्त कायम राखतलो आणि त्याच वेळार कल्याणकारी योजना, शिक्षण आनी भलायकी यांसारख्या महत्त्वाच्या क्षेत्रांवेलो खर्चय सुरक्षित दवरतलो. भारताच्या सेमीकंडक्टर धोरणाबाबत उलयताना, निर्मला सीतारामन हाणी सांगले की, देश प्रगत चिप्स आणि दैनंदिन उत्पादनांमदी वापरपी सेमीकंडक्टर्स, अशा दोन्ही क्षेत्रांत संध सोदता. कृत्रिम बुद्धिमत्ता (AI) आणि डेटा सेंटर्सच्या जलद विस्तारान वीज निर्मितीची गरज वाढतली आणि तेखातीर विश्वासाई वीज मुळाव्या सुविधांची आवश्यकता आसतली तशेच डेटा सेंटर्स, सेमीकंडक्टर निर्मिती आणि कृत्रिम बुद्धिमत्ते कडे संबंधित हेर मुळाव्या सुविधांची वाढती वीज गरज पूराय करपाक शाश्वत हरित ऊर्जा स्रोतांचो विकास करप महत्त्वाचे असल्याचेय ताणी नमूद केले.

गोयल 80

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्लींत नॅशनल स्ट्रॅटेजिक ट्रेड कमांड सेंटर' म्हळयार (NSTCC) चे उक्तावण केलें. NSTCC हो एक धोरणात्मक उपक्रम आसा, जाचो हेतू एकत्रीत डेटा विश्लेशण आनी पुराव्याचेर आदारीत निर्णय घेवपा वरवीं भारताच्या आंतरराष्ट्रीय वेपार पर्यावरण प्रणालीचेर नियंत्रण, विश्लेशण आनी शासन घटमूट करपाचो आसा. वरिश्ठ धोरण निर्मात्यांक आनी

सरकारी अधिकाऱ्यांक भारताच्या वेपारी कामगिरीची एकत्रीत नियाळ, निर्यात प्रसार येवजण्यो, नियामक मंजुरी, अर्जांचेर प्रक्रिया आनी कार्यकारी निर्देशक हांचे विशीं एकवटीत नियाळ दिवपा खातीर कमांड सेंटराची रचना केल्या अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलें.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात

आकाशवाणी पणजी   आता मुखावेल्यो खबरो

ई-गव्हर्नन्स – 65

ई-गव्हर्नन्स सुदारणां विशींच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेची सुरवात काल हिमाचल प्रदेशांतल्या धर्मशाळा शारांत जाली. हे परिशदेंत देशभरांतले वरिश्ठ सरकारी अधिकारी आनी तज्ञ एकठांय येवन ई-गव्हर्नन्स सुदारणा, डिजिटल रुपांतर, अभिनव उपक्रम आनी प्रभावी प्रशासकीय पद्दतींची अंमलबजावणी हांचेर चर्चा करतले. ह्या परिशदे वरवीं अधिक प्रतिसादक्षम, पारदर्शक, कार्यक्षम आनी तंत्रज्ञान सक्षम प्रशासन पद्दत तयार करपाचे दिकेन सामुहीक यत्न घटमूट जातले अशें कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयान सांगलें.

SEVA  SANKALP  190

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी लोकसेवेंची 25 वर्सां पुराय केल्या. ‘लोकसेवा राश्ट्रीय सेवेक’ ह्या मंत्रान आनी ताच्या अथक समर्पणाच्या भावनांतल्यान हो प्रवास प्रेरीत जाला.सेवा’ आनी ‘सुशासन’ ह्या दृश्टीकोनान मार्गदर्शन करून सरकार 2047 मेरेन ‘विकसीत भारत’ हें ध्येय साध्य करपा खातीर अविरत यत्न करीत आसा.समावेशी उदरगत आनी समाजीक सशक्तीकरणा वरवीं ही वचनबद्धताय लोकांच्या जिवितांत बदल घडोवन हाडटा. आयज आमच्या खाशेल्या माळेंत ‘एक भारत, श्रेष्ठ भारत’ उपक्रमांतल्यान ही पद्दत कशी चालीक लायल्या तें आमी तुमकां सांगता भारताच्या औपचारीक एकचारावांगडाच बऱ्याच काळासावन प्रादेशिक दुस्वास आनी लोकांमदीं मर्यादीत संवादाची पद्दत आशिल्ली. संस्कृतीक आनी भाशीक विविधतायेची तत्वीक नदरेन तोखणाय जाली तरी प्रत्यक्ष

अणभवाच्या पांवड्यार असमानताय दिसून आयली. ‘एक भारत, श्रेष्ठ भारत’ उपक्रमाखाला दरेक राज्य आनी संघराज्याची जोडी दुसऱ्या राज्य वा संघराज्याकडेन जाता. हाचे वरवीं विद्यार्थी, शिक्षक, उत्सव, भास आनी अन्न संस्कृताय हांचे सतत आदान-प्रदान जाता आनी कांय काळा उपरांत ही जोडी बदलता. देखीक- हरियाणांतल्या एका शाळेंत वर्सभर तेलुगू शिकोवप जाता, जाल्यार तमिळनाडूंतल्या एका जिल्ह्यांत लद्दाखांतल्या राष्ट्रीय खेळगड्यांक येजमानकी दितात. भारताचो एकवट ही घटनात्मक गजाल, पूण प्रत्यक्ष अणभवाच्या पांवड्यारय कांय प्रमाणांत विसंगती आशिल्ली. फकत घटनात्मक एकचार परतून सांगचे परस ह्या उपक्रमांत विविधतायेंतल्यान एकचार अणभवपाची संद निर्माण करपाचेर भर दिल्लो.अशें म्हणून एकवट फकत घटनात्मक तत्व न्हय, तर जियेल्लो अणभव जाला.

सौदी 85

सौदी अरेबियातली सध्याची परिस्थिती पळयल्यार, हवाई हल्लो जाल्यार स्थानिक प्रशासनान दिल्या सूचनांचे पालन करत घरातच रावचे, अशी शिटकावणी रियाधातल्या भारतीय दूतावासान भारतीय नागरिकांक दिल्या. दूतावासान थळाव्या नेमांप्रमाण क्षेपणास्त्र आणि ड्रोनचो प्रतिकार तशेच त्यांच्या हल्ल्याच्या सुवानांकडे संबंधित माहितीचे चित्रीकरण करप, ती प्रकाशित करप वा हेरांक दिवप, हे संबंधित व्यक्तीक कायदेशीर जबाबदारीक पात्र थारयता. मजगती रियाधमधल्या किंग खालिद आंतरराष्ट्रीय विमानतळा वेली विमानसेवा स्थगित आसा. दम्माम, जेद्दाह आणि मदिना विमानतळां वेली विमानसेवा काय आडमेळी सयत  सुरू आसा. भारतीय विमान कंपन्यांनी १७ ऑक्टोबर मेरेन सौदी अरेबियाक येवपी आणि वचपी विमानसेवा स्थगित केल्या.

वाणिज्य 80

दरवाडी संबंदीत आडमेळीं आसून लेगीत अंदू एप्रिल-सप्टेंबर ह्या काळांत अमेरिकेंत जावपी  भारताची वेपारी वस्तू निर्यात सुमार 51 अब्ज डॉलर मेरेन पावल्या अशें सरकारान सांगलां. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या आंकड्यां प्रमाण फाटल्या वर्साच्या ह्याच काळांत अमेरिकेंत निर्यात 45.73 अब्ज डॉलर जाल्या. प्रस्तावीत भारत-अमेरिका वेपार कबलातीचेर उलोवणी योग्य दिशेने सुरू असून, दोनूय देश बेगीनांत बेगीन कबलात करपाचे दिकेन वावुरतात अशें वाणिज्य सचीव

राजेश अग्रवाल हांणी सांगलें. वाणिज्य सचीवाच्या म्हणण्या प्रमाण इलॅक्ट्रॉनीक वस्तू, पेट्रोलियम उत्पादनां, अभियांत्रिकी वस्तू, रसायनां आनी शेतकी उत्पादनांची चड निर्यात जाल्ल्यान ही वाड दिसून आयल्या.

NEET- 25

सर्वोच्च न्यायालयान NEET-PG 2026 च्यो उत्तरपत्रिका आणि उमेदवारांनी दिल्या उत्तरांच्या प्रक्रीयेत अधिक पारदर्शकता असची, अशी मागणी करपी याचिकेर केंद्र सरकार आणि राष्ट्रीय वै जकीय आयोगाकडच्यान जाप  मागल्या.

डेन्मार्क ओपन 15

डेन्मार्क ओपन २०२६ च्या उपांत्यपूर्व फेरयेत तन्वी शर्मा दक्षिण कोरियाच्या आन से-यंग आड खेळ जातलो.

वेदर 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत मध्य प्रदेश, तेलंगना, ओडिशा आनी लक्ष्यद्वीप ह्या वाठारांनीय अशीच हवामानाची स्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, आयज कोंकण आनी गोंयचेर उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं  व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगां वरवीं लडाखांतल्या सुमार ३ हजार ३५० कोटी रूपया खर्चाचे पांच मुखेल उदरगतीचे प्रकल्प देशाक समर्पित केले.

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्लींत नॅशनल स्ट्रॅटेजिक ट्रेड कमांड सेंटर' (NSTCC) चे  उक्तावण केलें.

आनी इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो राष्ट्रीय खबरो आयकात आयज सांजेच्या 6 वरा 30 मिनटाचेर .........